**<u>मुख्यमंत्र्याकडल्यान शिक्षक दिसाची परबीं</u>**

ता. 4 सप्टेंबर 2021

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी 60 व्या शिक्षक दिसाच्या शुभप्रसंगार गोंयच्या शिक्षक वर्गाक हुनहुनीत परबीं भेटयल्या. म्हान शिक्षक डॉ. सर्वपल्ली राधाकृष्णन हांच्या जयंती दिसा प्रत्येक वर्सा  शिक्षक दीस मनयतात. शिक्षकी पेशा हो उदात्त पेशा जावन आसा. शिक्षक न्हय फकत ज्ञान दितात, जाल्यार विद्‌यार्थ्यांच्या व्यक्तिमत्वाची जडण घडण करतात.

शिक्षक  दीस मनयतना आमी तांका आदरांजली ओपतात आनी राष्ट्राच्या बांदावळीत शिक्षकांकडल्यान मेळपी योगदानाचो उगडास करतात. आयच्या म्हामारीच्या काळात विद्‌यार्थ्यांक ऑनलायन वर्ग घेवन शिकोवपा शिक्षकांनी केल्ले काम तोखणायेचे आसा.

आयच्या ह्या प्रसंगार हांव गोंयच्या शिक्षक वर्गाक डॉ. सर्वपल्ली राधाकृष्णन हांच्या कडल्यान प्रेरणा घेवन समर्पित आनी वचनबद्दतेच्या भावनेन आपले कर्तव्य निभावपाचो  उलो मारता, अशें मुख्यमंत्री म्हणटा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/750

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji